*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

**<u>विधवा बायलांनी ना हरकत दाखल्याचेर सय करपाची अट घेतली फाटी</u>**

ता. 4 नोव्हेंबर 2019

राज्यातल्या विधवा बायलांक मालमत्तेची विक्री, गीफ्ट, म्युटेशन, पॉवर ऑफ अटर्नी आनी हेर वेव्हार करतना संबंदीत उपजिल्ल्हाधिकाऱ्या मुखार ना हरकत दाखल्याचेर सय करची पडटाली. सरकारान ही अट आता फाटी घेतल्या आनी 31 ऑक्टोबर 2019 दिसा काडिल्ल्या आदेशा वरवीं ह्या पयलीची सगळीं परिपत्रकां, आदेश आनी निर्देश रद्द केल्यात.

ह्या आदेशाक लागून विधवा बयलांक आनी लोकांक मोठी थाकाय मेळटली. ह्या मुद्याचेर साबार संस्थांचे प्रतिनिधी आनी संबंदीत परिणाम जाल्ल्या सामान्य लोकांनी महसूलमंत्री श्रीमती जेनिफर मोंसेरात आनी महसूल सचीव श्री. संजय कुमार हांचे कडेन ह्या मुद्याचेर चर्चा केल्ली. तशेंच मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचेय ह्या निर्णयाक सहकार्य मेळिल्ल्यान हे शक्य जाला.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/767

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA